**एसटी/एससी युवकांखातीर साहस भोंवडी**

ता. 31 मार्च 2023

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान साहस भोंवडेखातीर (एडव्हेंचर ट्रॅक) अनुसुचीत जमाती (एसटी) आनी अनुसुचीत जाती (एससी) समाजातल्या 15 ते 29 वर्सां पिराय गटातल्या गोंयच्या युवकांकडल्यान अर्ज मागयल्या. एसटी युवकांखातीर 13 ते 16 एप्रिल 2023 मेरेन उत्तर जिल्ह्यात नानाडो, वळपय, सत्तरी आनी एससी युवकांखातीर 27 ते 30 एप्रिल 2023 मेरेन दक्षीण जिल्ह्यात नेत्रावळी अभयारण्य, सांगे वाठारांत साहस भोंवडी आयोजीत करतले. प्रत्येकी 50 युवकांची निवड करपात येतली.

इत्सुक युवकांनी 3 एप्रिल 2023 दिसा सकाळी 9.30 वरां सावन युथ हॉस्टेल, मिरामार हांगा आयोजीत निवड चाचणेक उपस्थित रावचे. युवकांनी एपीईओ श्रीमती पर्पेच्युआ सी. सिक्वेरा हांचे कडेन संपर्क करचो. साहस खेळां क्लबांचे आनी ट्रॅकिंग, रॉक क्लांबिंग, पॅरासेलिंग, रिव्हर राफ्टिंग आनी पेंवपाचो अणभव आशिल्ल्या युवकांक पयले प्राधान्य आसतले. युवकांनी निवड चाचणेक येतना वांगडा जातीचो दाखलो, वैजकी फिटनेस दाखलो, राबीतो पुराव्या सयत वळखपत्र हाडपाक जाय.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2023/301

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.